Panaji Regional

9th March 2026 7.25 am

CM – 110

संवसारीक बायलां दिसा निमतान गोंयांत ४० वर्सां पिराये वयल्या बायलां खातीर 'चेक्ड बाय दोतोर' ही खाशेली मोहीम सुरू जाता. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंय सरकारान 40 वर्सा पिरायेवयल्या बायलांखातीर खासा भलायकी चाचणी करपा खातीर शिबीर आयोजित केला अशी म्हायती दिल्या. सरकारी मुळाव्या भलायकी केंद्रानी, गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय तशेच उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलात हे शिबिर म्हयनोभर चलतले. त्या भायर व्हीजन, मणिपाल,अपोलो सारक्या खासगी हॉस्पिटलांनी १२००- १५०० रुपया इतलय उण्या फी त अशे शिबिर चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. बायलांनी व्यस्त जीवनात लेगीत स्वतची भलायकेची कुयदात घेवप गरजेचे आसा, ताका लागुन पुराय कुडीची फुकट चांचणेचो लाव गोंयच्या बायला नागरीकांनी घेवचो अशे मुखेलमंत्री सावंत हांणी म्हणला.

Ayush – 100

महिला दिसा निमतान काल गोयांतल्या अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेत दुयेंतींची जतनाय व्यवस्था आनीकूय घटमूट करपा संयत खाशेल्या आयुर्वेदिक सेवांचो विस्तार करपाच्या हेतान जायत्या खाशेल्या भलायकी सुविधांचें उक्तावण जालें. ह्या सुविधांचें उक्तावण गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केलें. ह्या वेळार आयुश मंत्रालयाचे राज्यमंत्री (स्वतंत्र प्रभार) प्रतापराव जाधव; आयुश मंत्रालयाचे सचीव राजेश कोटेचा; आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

अखिल भारतीयआयुर्वेद संस्था आधुनीक भलायकी सेवे बरोबर पारंपारिक वखद पद्धतींक उर्बा दिवपा खातीर वचनबद्ध आसा. हे संस्थेंत ह्या सुविधांच्या उक्तावणाक लागून दुयेतींचे सेवेंत लक्षणीय वाड जातली आनी लोकां खातीर विशेश आयुर्वेदीक उपचारांची उपलब्धताय वाडटली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणलें.

CCP - 90

पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 69 उमेदवार वेंचणूक रिंगणात आसा. पणजी म्हापालिके खातीर बुदवारा 11 मार्चाक मतदान जातलें. बाबूश मोन्सेरात हांचे फुडारपणा खाला भाजप पॅनल आनी उत्पल पर्रीकार हांचे फुडारपणा खालच्या पॅनलामदी थेट लडत जातली.

काल प्रचाराच्या निमणे दिसा उत्पल पर्रीकार हांणी पणजे खातीर जाहीरनामो जाहीर केलो. जाहीर प्रचार सोपिल्ल्यान उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यांनी भारतीय न्याय संहितेच्या 163 कलमा खाला जमावबंदीचो आदेश जारी केला. हो आदेश आयज 9 मार्च सावन सकाळी 8 ते मतदान सोपा मेरेन 11 मार्च सांजे 6 मेरेन लागू आसतलो. हाका लागून चार परस चड लोकांचो जमाव तशेच सबा घेवपाचेर बंदी आसतली.

Post – 120

टपाल खातें 18 मार्च 2026 दिसा सकाळीं 11 वरांचेर पणजेच्या पोस्टमास्टर जनरल कार्यालयांत गोंय प्रदेशा खातीर 65वि प्रादेशिक पांवड्यावेली डाक अदालत आयोजीत करतले. गोंय राज्य आनी महाराष्ट्रांतले सांगली, कोल्हापूर, रत्नागिरी आनी सिंधुदुर्ग जिल्हे हे पांच टपाल विभाग आशिल्ल्या गोंय प्रदेशातली टपाल सेवा, स्पीड पोस्ट, काउंटर सेवा, बचत बँक खातीं आनी मनी ऑर्डर हांचे संबंदीत कागाळीचेर डाक अदालतांत विचार जातलो.

कागाळी दाखल करपाची निमाणी तारीक 12 मार्च 2026.

Weather – 50

राज्यांत चडांत चड तापमान 33-34°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 23-24°C आसा.

Cricket – 90

काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले फायनलीच्या खेळांत न्युझिलॅण्डाक 96 धांवड्यांनी हारयत भारतान तिसरे फावट टी-20 वर्ल्ड कप जिंकून इतिहास रचलो. भारतान पयली बॅटींग करतना 5 बाद 255 धांवड्यो काडल्यो. जाप दितना न्युझिलॅण्डाचो डाव 19 ओव्हरींत 159 धांवड्यांचेर सोंपलो. जसप्रीत बुमराहान सगळ्यांत चड 4 विकेटी घेतल्यो आनी ताका Player of the Match खिताब फावो जालो. संजू सॅमसनाक प्लेयर ऑफ द टूर्नामेंट खिताब फावो जालो.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आणि पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हाणी आयसीसी दादल्यांची टी-20 सवसरीक करंड सर्ट जिखिल्ल्या खातीर भारतीय क्रिकेट पंगडाक परबीं दिल्यांत.